प्रादेशिक खबरो

१३.०२.२०२६ @ 7.२० PM

वेंचणूक लागीं पावतकच विरोधी पक्ष परत परत दाबोळी विमानतळाचो प्रस्न मांडटा अशें मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

गोंयांत नोंद आशिल्ले डीपीआयटी स्टार्टअप मदले 50 टक्के स्टार्टअप हे बायलांनी सुरू केला अशी म्हायती म्हायती आनी तंत्रगिन्यान मंत्री रोहन खंवटे हांणी दील्या

केंद्रीय अर्थसंकल्प आनी राज्य अर्थसंकल्पाची तयारेच्या फांटभुयेर आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी पर्वरे मंत्रालयात वेगवेगळ्या खात्याच्या विभाग मुखेल्यांवांगडा बसका घेवन खात्याच्या कामकाजाचो नियाळ घेतलो

फाल्या सावन पणजीत कार्निवल उत्सव सुरु जाता.

इंडिअन सुपर लीग म्हल्यार आय एस एल फुटबॉल सरतीत फक्त १४ पगडच खेळतले असो निर्णय अखिल भारतीय फुटबॉल महासंघाच्या कार्यकारी समितीन घेतला.

वेंचणूक लागीं पावतकच विरोधी पक्ष परत परत दाबोळी विमानतळाचो प्रस्न मांडटा अशें मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. दक्षिण गोंयचो खासदार कॅप्टन विरियातो फर्नांडीस हे 'बेजबाबदार' वक्तव्या करून राजकीय प्रसाध्दीखातीर हे करता. दाबोळी विमानतळ बंद जावचो ना अशें आयज मुखेलमंत्र्यान परत एकदा स्पश्ट केला. ₹450 कोटी रूपया खर्च करून उड्डाण पुल बांधपाचे काम चालू आसा; नागरी विमानन मंत्रालयान फाटल्या 5 वर्सांत ₹400 कोटी खर्च करून हो विमानतळ फकत नौदळाक दिवंपाक खर्च करूंक ना. तशेंच मोपा विमानतळ सूरू करच्या पयली दाबोळी विमानतळ नागरी सेवेखातीर कार्यरत उरतलो असो निर्णय जाला.ताका लागुन गोंयचे दोनूय विमानतळ चालूच उरतले अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

गोंयांत नोंद आशिल्ले डीपीआयटी स्टार्टअप मदले 50 टक्के स्टार्टअप हे बायलांनी सुरू केला अशी म्हायती, म्हायती आनी तंत्रगिन्यान मंत्री रोहन खंवटे हांणी दील्या.तशेंच बेगीनुच गोवा ऑनलायन एआय चॅटबोट आनी हायब्रीड आयटी पार्क चालीक लायतले अशी म्हायती तांणी दील्या.पणजे म्हायती तंत्रज्ञान खात्यान स्टार्ट अप धोरणा खाला गोवा स्टार्ट अप एक्सलरेटर हो उपक्रम सुरू केला. ह्या उपक्रमाच्या उक्तावणा वेळार ते उलयताले. विकसीत गोंय हे टॅक मोडांत गेलां आनी ह्या काळांत उद्देजक हातून महत्वाची भुमिका साकारता अशे तांणी म्हळा.

केंद्रीय अर्थसंकल्प आनी राज्य अर्थसंकल्पाची तयारेच्या फांटभुयेर आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी पर्वरे मंत्रालयात वेगवेगळ्या खात्याच्या विभाग मुखेल्यांवांगडा बसका घेवन खात्याच्या कामकाजाचो नियाळ घेतलो. वेगवेगळ्या खात्यांचें समन्वय आनी कार्यक्षम कार्यपद्दत सुनिश्चीत करपाचो हेतू आशिल्ल्यान आंतरविभागीय प्रस्न सोडोवपा खातीर सचीवांची नेमणूक केला अशी म्हायती ह्या बसके उपरांत मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी पत्रकारांक दील्या. गोय अर्थसंकल्पीय अधिवेशन 6-26 मार्च ह्या काळात जातले. हे फावट अधिवेशनाचो काळ 14 दीस आसतलो. ह्या अर्थसंकल्पिय अधिवेशनात महत्वाच्या निर्णयांची,अर्थिक तरतुदींची, तशेंच राज्याक येनावळ कशी वाडयतले हे विशी घोशणा जातली. केंद्रा कडल्यान राज्याक कितलो निधी मेळटलो ते प्रमाण तरेकवार खात्यां खातीर निधीची तजवीज जातली. हाचे खातीर केंद्रीय अर्थसंकल्पातल्यो येवजण्यो तशेच निधीचो नियाळ जालो. भौशीक बांदकाम खाते, वीज खाते, पेयजल खाते अशा तरेकवार खात्यांचो एकमेका कडेन संबंद येता. येवजण्यो वा निधीची तजवीज करताना हाचो विचार करचो पडटा. हाका लागून अर्थसंकल्पा खातीर तरेकवार खात्यांमदी समन्वय सादपाचेर विचार विनिमय जालो, अशें मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें.

प्रजापिता ब्रह्मकुमारी ईश्वरीय विश्वविद्यालयान 'मेरा भारत नशा मुक्त भारत ' ह्या विशयाचेर १४ ते २१ फेब्रुवारी अशे सात दिस अभ्यास सत्रांचे आयोजन केला. हरवळे - सांखळे वाठारांत आयोजित केल्ल्या ह्या मार्गदर्शन सत्रांनी राज्यातल्या शाळांनी खास करून विद्यार्थ्यांनी वांटेकार जावंचे अशे प्रजापिता ब्रह्मकुमारी ईश्वरीय विश्वविद्यालयाच्या गोंय फाट्यांन आवाहन केलां. ही कार्यावळ विद्यार्थ्या खातिर उपयुक्त आसा आनी तांतूत शालेय विद्यार्थ्यांनी वांटेकार जावंचे अशे आवाहन शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी केलां.

लोकहिताच्या गजालींनी वकीलांची म्हत्वाची भुमिका आसता आनी वेगवेगळ्या परिस्थितींत तांची गरज आसता अशें आयटी मंत्री रोहन खंवटे हांणी म्हणला.ते मीरामार हांगाच्या साळगांकार कॉलेज ऑफ लॉ हांगा आयोजीत केल्ल्या coverge 3.0 ह्या कार्यावळीत उलयताले. कायदेशीर वेवसायाक पयलीं चड आव्हानांक तोंड दिवचें पडलें, पूण डिजिटलीकरण आनी चॅटजीपीटी सारकिल्या साधनांक लागून आता तातुन सोपेपणा आयला अशें तांणी सांगलें. तशेंच तंत्रगिन्यान फुडें वता तशें मनीस फाटी पडुंक जायना. ए.आय वांगडा हातांत हात घालून कामा करप महत्व हाची खात्री शिक्षणीक मळार करची पडटली अशें मंत्री रोहन खंवटे हांणी भर दिलो.

फाल्या सावन पणजीत कार्निवल उत्सव सुरु जाता. आज पडदो उघ्दपाची कार्यावल म्हणून पर्वरी कार्निवलची सुरवात मिरवणुकीतल्यान पर्यटन मंत्री रोहन खवटे हाणी केली

1965 वर्सा गोंयात पयलेच खेप जाल्या कार्निवालात किंग मोमो जसो महोत्सवात बैलगाड्यार उबो रावून अयील्लो तेच वरी हांगा किंग मोमो आपल्या राणये सयत बैलगाड्यार उबो रावुन आयलो. ह्या कार्नावलाची सुरुवात पर्यावरण पुरक, इंधनाच्य गाडयाच्या उपेगाशिवाय, तशेचं जनरेटराच्य उपेगाशिवाय, आनी व्हड ध्वनी प्रणालीच्या उपयोगा शिवाय करपाचो निर्णय पर्यटन खात्यान घेतला. हो कार्नावल सुरवेक जसो सुरु केल्लो. तसोच पर्यावरण पुरक करपाच्य नदरेतल्यान पर्यटन खाते महत्व दिता अशे पर्यटन मंत्री रोहन खवटे हांणी ह्यावेळरा उलयतना सागंला.

कार्नवाल हो खुशालभरीत महोत्सवाचो खीण दिवपी महोत्सव तो सघल्यांनी उमेदिन मनवचो अशे अंदु वर्सा किंग मोमो म्हण वेचील्य्या सेड्रिक दा कोस्ता हाणी सांगले

केंद्रीय उद्देगीक सुरक्षा दळाची वंदे मातरम कोस्टल सायक्लोथॉन रॅली 15 फेब्रुवारी 2026 दिसा गोंयच्या चिकली गावांत पावतली. ही सायक्लोथॉन रॅली महाराष्ट्रातल्या सिंधुदुर्ग जिल्ह्यातल्यान गोंय राज्यांत प्रवेश करतली. जानेवारीच्या निमण्या सप्तकात अस्तंते कडल्यान गुजरातांतलो लखपत किल्लो आनी पूर्वेकडल्यान पश्चिम बंगालच्या बक्खली हांगाच्यान ह्या रॅलीक सुरवात जाल्ली. "वंदे मातरम"च्या 150 व्या वर्सुकीं दिसानिमतान देशाच्या दर्यादेगे कडल्या वेगवेगळ्या राज्यांतल्यान प्रवास करून थळाव्या संस्कृतीचो प्रचार करप, दर्यादेग आनी दर्या सुरक्षा जागृताय करप हो रॅलीचो उद्देश आसा.

19 फेब्रुवारीक फर्मागुडी-फोंडा हांगा आयोजीत राज्य पांवड्यावयल्या छत्रपती शिवाजी महाराज जयंती सुवाळ्यानिमतान म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन छत्रपती शिवाजी महाराजांची जीण आनी कार्याचेर हायस्कुल आनी उच्च माध्यमिक विद्यार्थ्यांखातीर अखिल गोंय नाट्य प्रवेश सर्त आनी आंतर महाविद्यालयीन प्रस्नमंजूशा सर्तीचे आयोजन करतले. ही सर्त सकाळी 9.00 वरांसावन फर्मागुडी हांगाच्या श्री गणपती देवस्थानच्या प्राकारात जातली. नाट्य प्रवेश सादरीकरणाखातीर चडांत चड 5 मिनटांचो वेळ मेळटलो.

उपरांत आंतर महाविद्यालयीन प्रस्नमंजूशा सर्त जातली. सर्तीत दोन विद्यार्थ्यांक वाटो घेवपाक मेळटलो.

भारत सरकाराच्या टपाल खातें 8 मार्च 2026 क  गोंयच्या चार सुवातींनी तरणाट्यां खातीर 'यूपीयू 2026 आंतरराष्ट्रीय पत्र बरोवपाची सर्त' घडोवन हाडटले.शाळेंतल्या विद्यार्थ्यां मदीं सृजनशीलताय, सर्जनशीलता, समीक्षात्मक विचारसरणी आनी  पत्रलेखनाच्या कलेक प्रोत्साहन दिवपा खातीर  'युनिव्हर्सल पोस्टल युनियन' च्यावतीन वर्सुकी जागतीक उपक्रमाचो' एक भाग म्हूण ही सर्त घडोवन हाडटा.ही सर्त गोंयच्या टपाल खात्यांत, गोंय विद्यापीठ, सारस्वत विद्यालय हायस्कुल, मापुसा, ए. जे. डी अल्मेडा हायस्कूल, पोंडा आणि रोझरी उच्च माध्यमिक विद्यालय न्हावेली  आयोजित करतले.९ ते १५ वर्सां पिरायेच्या गटांतल्या शाळेच्या विद्यार्थ्यांक हे सर्तींत वांटो घेवंक मेळटा. इत्सूक उमेदवारांनी आपलें नांव, पत्तो, जल्म तारीक, लिंग, शाळेचें नांव आनी पसंतीचें केंद्र हेर तपशीलां सयत dogoa.mh[at]gmail[dot]com ह्या ईमेलाचेर 25 फेब्रुवारी 2026 मेरेन सादर करचें,

अखिल भारतीय फुटबॉल  महासंघान आय लीग फुटबॉल सरतीचे नामांतर केला. २०२५-२६ मोसमा पासून इंडिअन फुटबॉल लीग अशे नाव जातले.

इंडिअन सुपर लीग म्हल्यार आय एस एल फुटबॉल सरतीत फक्त १४ पगडच खेळतले असो निर्णय अखिल भारतीय फुटबॉल महासंघाच्या कार्यकारी समितीन घेतला.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण चडान चड तापमान ३३.६  डिग्री सेल्सियस आणि उन्यात उणे तापमान १९.२ डिग्री सेल्सियस नोंद जाल्या. वातावरण सुके आणि वताळ आसतले.